## पॅरा शिक्षकांक फुडल्या वर्सा नियमीत पदांचेर घेतले-मुख्यमंत्री

ता. 23 नाव्हेंबर 2017
2 मार्गशीष 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज शिक्षण संचालकावांगडा बसका घेवन पॅरा शिक्षकांच्या प्रस्नाचेर चर्चा केली. आरटीई कायद्याच्या चौकटीभितर काय अटी पूर्ण करून आनी सुट दिवन फुडल्या शालेय वर्सासावन पॅरा शिक्षकांक नियमीत पदांचेर आसपावन घेवपाचो निर्णय बसकेत घेतलो.

शिक्षण खात्याच्या आदेशाप्रमाण 25 नोव्हेंबर 2017 दीसा वा त्या पयली कामार रूजू जाल्ल्या पॅरा शिक्षकांक हो निर्णय लागू आसतलो.